# तियात्र अकादमीन तियात्र दीस मनयलो

ता.18 एप्रिल 2018
28 चैत्र 1940

गोवा तियात्र अकादमीन गोवा कला अकादमीच्या जोड पालवान आयज 125 वो तियात्र दीस मनयलो. कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे कला अकादमीत आयोजीत कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हुण हजर आशिल्ले. महाराष्ट्र विभागाचे पोस्ट मास्तर जनरल श्री. एस. सी. अगरवाल आनी गोवा विभागाचे पोस्ट मास्तर जनरल डॉ. एन. विनोद कुमार, कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. गुरूदास पिळर्णकर हे कार्यावळीचे मानाचे सोयरे आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी तियात्र हे लोकांक सुशिक्षीत, मार्गदर्शन आनी करमणूक करपाचे परिणामकारक अशें माध्यम आशिल्ल्याचे सांगले. जांणी तियात्राची सुरवात केली तांका आमी विसरपाक जायना. खुप वर्सा पयली लायिल्ले तियात्राचे रोप आयज एक व्हड रूख जाल्लो आसा. गोंयची तियात्र कला राखून दवरपाखातीर तियात्र अकादमीकडल्यान तोखणाय करपासारखो वावर चालू आसा, अशेंय तांणी सांगले.

श्री. गुरूदास पिळर्णकर हांणी गोंयच्या समाजात तियात्राक म्हत्वाचे स्थान आशिल्ल्याचे सांगून ह्या कलेतल्यान लोकांची नैतिक आनी सामाजीक शिक्षणाची तशेंच करमणूकीची गरज भागता आनी ही कला आमी आमच्या फुडले पिळगेक सांबाळून दवरपाक जाय, अशें सांगले.

ह्या वेळार मंत्र्याहस्तूकीं नामनेचे तियात्र कलाकार श्री. अँथनी ग्राबियल फर्नांडिस, मिंगेल डायस, तोमाजिव कार्दोज, लुईस कोता, श्रीमती मिलाग्रीस फर्नांडिस, श्रीमती लॉर्ना कारदेरो, श्री. दुमिंगो कुयेलो, थॉमस ब्रिटोन, सिजर डिमेलो, फ्रान्सिस झेवियर फर्नांडिस, तिओदोर आल्वारिस, श्रीमती जीन ग्लोरिया डिसौझा हांचो सन्मान केलो.

तियात्र दीस आयोजन समितीचे अध्यक्ष श्री. तोमाझिन कार्दोज हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.